# <u>मतदार वळेरी तपासणीच्या कामाक सुरवात</u>

ता. 26 ऑगस्ट 2024

केंद्रीय वेंचणूक आयोगाच्या आदेशा प्रमाण मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान गोंय राज्यांतल्या सगळ्यां चाळीसय विधानसभा मतदारसंघा संबंदीत मतदार वळेरींची तपासणी करपाच्या कामाक 20 ऑगस्ट सावन सुरवात केल्ली आसा आनी हे काम 18 ऑक्टोबर 2024 मेरेन चलतले. संबंदीत मतदार नोंदणी अधिकारी आनी सहाय्य मतदार नोंदणी अधिकारी विधानसभा मतदारसंघाच्या संबंदीत भागाच्या बीएलओ कडल्यान मतदार वळेरींची तपासणी करतले. 1 जानेवारी 2025 ही पात्र तारीख धरून नवीन मतदारांची नोंदणी, मरण आयिल्ल्या आनी कायम स्थलांतरीत मतदारांची नावां वगळावप आनी मतदार वळेरींतल्या चुकांची दुरूस्ती करपाचे काम करतले.

बुथ पांवड्यावयलो अधिकारी घराघरांनी भेट दिवन मतदार वळेरींतल्या मतदारांची म्हायती तपासतले. लोकांनी आनी राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींनी बुथ पांवड्यावयल्या अधिकाऱ्याक सहकार्य करून आवश्यक म्हायती दिवची आनी अचुक मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची, अशी विनंती मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/437

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.